

अध्याय 7

# संगीत वाद्यां

उद्दिश्टः संगीतांत वाद्यांची प्रासंगिकता समजून घेवप आनी वाद्य कुटुंबांचो सोद घेवप.

स्वर आनी ताल हांचो थरावीक आनी समृद्ध आवाज तयार करपाखातीर वाद्यांचो उपेग करतात.

## क्रिया 1: संगितांत संगीत वाद्यांची भुमिका

'श्यामले मीनाक्षी' हें गीत आयकून घेयात. आतां तें स्वता गावपाचो यत्न करात

**गीतः** श्यामले मीनाक्षी
**संगीतकार**: मुथुस्वामी दीक्षितर

*श्यामले मीनाक्षी*
*सुंदरेश्वर साक्षी*
*शंकरी गुरुगुहा*
*समुदभावे शिवेवा*
*पामारा मोचानी*
*पंकजा लोचनी*
*पद्मासन वाणी हरी*
*लक्ष्मी विनुते शांभवी*
*श्यामले मीनाक्षी*

*"दर एक संगीतकार एक कथाकार आसता, काळजाच्यो काणयो सांगपा खातीर सूर आनी ताल वापरता.".”*

**– पंडीत रविशंकर,**
*भारतरत्न,*
*सतारीचो प्रतिपादक*

0680CH07

| वावर | वर्गा कडेन चर्चा |
|---|---|
| तुमच्या वर्गांत मेळपी खंयचेंय वाद्य वापरून हें गीत गावचें. वा ताळी, उड्यो मारून, वा शरिराच्या अवयवांचो उपेग करून तालान गीत गावचें.. | शरिराचे अवयव वापरून गीत गावपाक कशें मजत जाल्या? तुमकां मजा आयली? |
| आतां ऑडियो ट्रॅक घेवन गावप. वांगडा आशिल्लीं वाद्यां म्हळ्यार व्हायोलीन आनी मृदंग. | वाद्याचो संगीत तुकड्याच्या अणभवाचेर कसो परिणाम जाता? |
| आतां नव्या वाद्यांचेर – पियानो आनी ड्रमाचेर ऑडियो ट्रॅक गायात . | वेगळ्या वाद्यांचो संच घेवन गावपाचो तुमचो अणभव कसो आशिल्लो? तुमकां प्राधान्य आशिल्लें आनी कित्याक? |

© NCERT not to be republished

**तुमकां खबर आसा?**

उस्ताद बिस्मिल्लाह खान हो भारतांतलो एक व्हड शहनाई वादक, जांकां भारतरत्न पुरस्कार फावो जाला. पयलीं चड करून लोकसंगितांत वापरांत आशिल्लें शहनाई हें लाकडी वाद्य ह्या व्हड संगितकाराच्या यत्नांक लागून हिंदुस्थानी शास्त्रीय संगितांत लोकप्रिय जालें. ताका धर्मीक एकचाराचें प्रतीक मानताले. भारताक स्वातंत्र्य मेळ्ळें त्या दिसा 15 ऑगस्ट 1947 दिसा तांबड्या किल्ल्याचेर सादरीकरण करपाक तांकां आमंत्रीत केल्लें



## क्रिया 2: आयकप आनी प्रतिक्रिया दिवप

वाद्या वांगडा सांगिल्ली कथा आयकात. हें वाद्य कथाकथनाची खोलाय कशी वाडयता तें स्पश्ट करात.



*सरस्वती वीणा*

हें वाद्य वाजयतना एक कथा आयकुपाचो यत्न करात आनी तुमच्यो भावना नोंद करात..

## क्रिया 3: वाद्य कुटुंब

लय आनी गती हे संगीताचे दोन म्हत्वाचे घटक. हांच्या आदारान वाद्यांचें वर्गीकरण अशें करतात::

- माधुर्य वाद्यां
- ताल वाद्यां

वाद्यांचें वादन कशें करतात ताचेर आदारून फुडलें वर्गीकरण करतात. वाद्यांचें वर्गीकरण समजून घेवपा खातीर फुडल्या पानांत दिल्ल्या चित्राचो संदर्भ घेयात.

कोश्टकांत सांगिल्लीं वाद्यां सोडल्यार ताला खातीर वापरतात त्या दोन वाद्यांचीं नांवां दियात?

1. ______________________

2. ______________________

माधुर्य खातीर वापरतात त्या दोन वाद्यांचीं नांवां दिवं येता?

1. ______________________

2. ______________________

दोरी ओडून वाजयतात त्या दोन माधुर्य वाद्यांचीं नांवां दिवं येता?

1. ______________________


2. ______________________

धातू पसून तयार केल्ल्या दोन ताल वाद्यांचीं नांवां दिवं येता?

1. ______________________

2. ______________________

© NCERT not to be republished



© NCERT not to be republished

## क्यूआर कोड स्कॅन करात आनी वाद्याच्या नांवां कडेन जुळयतात

| क्यूआर कोड | वाद्य | क्यूआर कोड | वाद्य |
|---|---|---|---|
| 1. | a.  सितार | 2. | b.  संतूर |
| 3. | c.  हार्मोनियम | 4. | d.  तानपुरा |
| 5. | e.  व्हायोलीन | 6. | f.  शहनाई |
| 7. | g.  तबला | 8. | h.  सरोद |
| 9. | i.  बांसरी | 10. | j.  पखवाज |

© NCERT not to be republished

उतरां: १-इ, २-द, ३-अ, ४-ब, ५-क, ६-ह, ७-ज, ८-ई, ९-ग, १०-फ

## क्रिया 4: स्वताचें वाद्य तयार करात

*जलतरंग* हें एक मनोरंजक वाद्य आसून तातूंत कांच, धातूच्या वा मातयेच्या वाट्यांचो संच आसता आनी दरेकल्यांत उदकाचें प्रमाण वेगवेगळें आसता. कलाकार दर एका वाट्याचो रीम लाकडी दांड्यान मारता आनी संगीत तयार करता. हें एक माधुर्य आनी तालवाद्य. दर एका वाट्येंत उदकाच्या पातळी वयर आशिल्ली हवा आवाज तयार करपा खातीर कंपन करता म्हूण आमी ताका वाऱ्याचें वाद्य अशें म्हणूं येता. तशेंच हें एक प्रहारी वाद्य आसा कारण हो आवाज वाट्येंचें रीम म्हळ्यार पडद्याक वा पृश्ठभागाक मारून तयार जाता.

तुमच्या रांदचेकुडींत मेळपी वाट्यांनी आमी जलतरंग तयार करूया

### सामग्री

पांच बळिश्ट वाट्यो, उदकाचें एक लात आनी दोन पेन्सीली वा लाकडी काड्यो. आतां आमी –

- एका मेजाचेर एकेच ओळींत वाट्यांची मांडावळ करची..
- वाट्यांनी वेगवेगळ्या प्रमाणांत उदक भरचें. पयली वाटी एक कप उदकान, दुसरी वाटी तीन चतुर्थांश कप, तिसरी वाटी अर्द कप आनी चवथी वाटी एक चतुर्थांश कप उदकान भरची..
- मचो स्वताचो *जलतरंग* वापरा खातीर तयार आसा.
- दर एका वाट्येचें रीम हळूच पेन्सील वा काड्येन मारचो, आनी स्वताचें संगीत तयार करचें. वेगवेगळे बावटे मारतना वेगवेगळे स्वर कशे तयार जातात हाचें निरीक्षण करात.



© NCERT not to be republished

## क्रिया 5: आयकात आनी शिकात

भारतीय संगीत अणभव संग्रहालय, बंगळुरू हांणी तयार केल्ल्या भारतांतल्या वाद्यांचो दृश्य आनी श्रवण परिचय पळयात. हातूंतलें खंयचें वाद्य तुमकां आवडटा आनी कित्याक? वाद्यांचें वर्गीकरण करपी वेगवेळ्या मार्गांची दखल घेवची.

## क्रिया 6: प्रकल्प करूया

- संगीत आनी विज्ञान.
- खंयच्याय थळाव्या संगीतकाराचें जिवीत रेखाटन आनी तांचें योगदान.

### वाद्यांचें जादुई जग

वाद्यां एक समृद्ध संगीत अणभव तयार करतात. वाद्यांचें तांची उपयुक्तताय आनी ते ज्या साहित्यान तयार जातात ताचेर आदारून वर्गीकरण करूं येता. तुमकां आवडटा तीं गितां आयकुचीं. वापरिल्लीं वाद्यां सोदून काडून तांचें वेगवेगळ्या वर्गांत वर्गीकरण करचें.

**शिक्षकांक सुचोवणी**

शाळा कार्यशाळा आनी प्रात्यक्षिका खातीर थळाव्या कलाकारांक आमंत्रण दिवपाक शकता. भुरग्यांक आपल्या शिक्षकां कडल्यान कशे शिकले तें सोदून काडपा खातीर कलाकारा कडेन संवाद सादपाक प्रोत्साहन दिवचें. ते जिवीत कशें जगतात आनी हेर खंयचेय अणभव वांटपाक कलाकार तयार आसतात. तशेंच विद्यार्थ्यांक विशिश्ट संगीत वाद्य आनी ताचें मुळावें वादन तंत्र शिकपाक प्रोत्साहन दिवचें (शिक्षकाच्या उपलब्धताये प्रमाण).



*पंडित रविशंकर (भारतरत्न पुरस्कारीत)*

© NCERT not to be republished